# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# वांकनाशिल्लें मनीस


बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Jonathan Hay
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Mary-Anne S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस



सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



राजा नबूकदनेस्सर हाणें भांगराची व्हडली मूर्त बांदली. ती तकले सावन पांय मेरेन भांगराची आशिल्ली. घडये राजा विसरून गेल्लो, जे सपन देवान ताका सांगपाक धाडिल्लें, ताचे भांगराचें राज्य सदांकाळ टिकचें ना. घडये ताका दिसलें, ताणें पुरायपणान भांगराची मूर्त बांदली जाल्यार ताच्या सपनांतलें देवाचें उतर साकार जावचें ना.




राजाच्या एका नोकरान सगळया लोकांक आदेश वाचलो: “... तुमी सकयल पडून भांगराच्या पुतळयाची पुजा करात ... आनी जो कोण सकयल पडून पुजा करिना ताका जळपी अगनी भट्टेच्या मदीं उडयतले.”
3


राजान सांगिल्लें सगळयांनी केलें - तीन मनीस सोडून. हे मनीस हिब्रू आशिल्ले. ते दानीएलाचे इश्ट शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगो. त्या वेळार दानीएल नाशिल्लो अशें दिसता, कारण खात्रीन तोय मनशान तयार केल्ले मूर्तीची पुजा करपाक न्हयकार दितलो.
4


राजाच्या ज्ञानी मनशांक दानीएल आनी ताच्या इश्टांचो दुस्वास जालो कारण राजाक ते आवडटाले. देखून तांणी म्हणलें, “तुवें बाबिलोन प्रांताचेर राज्य करपी तीन मनीस आसात - शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगो. हे मनीस, हे राजा, तुजें आदन्या पाळनात. ते तुज्या देवांची सेवा करिनात आनी भांगराच्या पुतळयाचीय पुजा करिनात. जी तुवें स्थापन केल्या.”
5


राजा नबूकदनेस्सर रागान भरिल्लो. ताणें तांकां शिटकावणी दिली, “तुमी पुजा करिनात जाल्यार तुमकां जळपी उज्याच्या भट्टेच्या मदीं उडयतले. आनी खंयचो देव तुका म्हज्या हातांतल्यान सोडयतलो?”
6


राजा व्हडली चूक करतालो. तो खरेंच जिव्या देवाक आव्हान दितालो. पुतळयाची पुजा करप देवाच्या कायद्या आड आसा हें तिगां हिब्रू मनशांक कळ्ळें. ते उबे रावले. देवाचेर विस्वास दवरून, तांकां राजाचो भंय नाशिल्लो.
7


ह्या तिनूय वीर मनशांनी राजाक जाप दिली. तांणी म्हणलें, “आमी जाची सेवा करतात तो आमचो देव आमकां जळपी उज्याच्या भट्टेंतल्यान सोडवंक शकता. पूण ना जाल्यार राजा, हें तुका कळूं, तुज्या देवांची सेवा करचे नात आनी तुवें वयर दवरिल्ले भांगराचे पुतळेची पुजा करचे नात.”
8


राजा नबूकदनेस्सर रागान भरिल्लो! तांणी भट्टी ताचेपरस सात पटींनी चड तापवची अशी आदन्या दिली. तरी लेगीत ते नमस्कार करपाक नाशिल्ले.
9
राजान आपल्या सैन्यांतल्या पराक्रमी लोकांक शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगो हांकां बांदून उज्याच्या भट्टेंत उडोवपाची आदन्या दिली.
10
भट्टी इतली गरम आशिल्ली की शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगोक उज्यांत उडयलेले मनीस उज्याचो धग लागून मेले.
11
राजा सुरक्षीत अंतरान पळेतालो. ते तिगूय मनीस जळपी भट्टेच्या मदीं उडयतात ताका दिसलें. पूण ताका इतलेंच दिसलें ना.
12
राजा नबूकदनेस्सर अजापीत जालो! “आमी तीन मनशांक बांदून उज्याच्या मदीं उडयले नात?” ताणें आपल्या मदतगारांक विचारलें. “होय” तांणी जाप दिली. ताणें म्हणलें, “पळय! म्हाका मेकळळे चार मनीस दिसतात, उज्याच्या मदीं चलतात, आनी तांकां दुखापत जायना. आनी चवथो देवाच्या पुता सारको!”
13
जळपी उज्याच्या भट्टेच्या दारा लागीं वचून राजा रडलो, “शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगो, सर्वोच्च देवाचे सेवक, भायर येयात!” उपरांत शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगो, उज्याच्या भट्टेंतल्यान भायर सरले.
14

सगळे भोंवतणी जमले आनी तीन हिब्रू लोकांची तपासणी केली. उज्याक तांकां लासपाची तांक ना हें तांणी पळयल्लें. केंस लासले नात आनी कपडे जळिल्ले नाशिल्ले. तांचेर उज्याचो वास लेगीत नाशिल्लो.



15

जेन्ना तांकां कितें घडलां तें कळ्ळें तेन्ना राजा नबूकदनेस्सरान कितें तरी खूब बुद्धीन केलें. ताणें मागणें केलें आनी म्हणलें, “शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगोच्या देवाचो धन्य जावं, जांणी आपलो देवदूत धाडलो आनी तांकां सोडयलो.”



16

वांकनाशिल्लें मनीस

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

दानीएल ३

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

17




33 60

18

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16

19